# <u>स्वयंपुर्ण आनी भांगराळे गोंय करपाक सरकार कटीबद्द आसा- मुख्यमंत्री</u>

ता. 26 जानेवारी 2021

स्वयंपुर्ण गोंय मोहिमेखाला प्रत्येक गोंयकाराक जांव मगीर तो शेतकार, घरकाम करपी, उद्देगीक कामगार वा वेवसायिक ताका आत्मनिर्भर करपा खातीर गोंय सरकार कटीबद्द आसा. भांगराळे गोंय करपाच्या उद्देशान गोंयच्या नागरिकांक बऱ्यातल्यो बऱ्यों सुविधां हे सरकार दिवपाचे यत्न करतले. विकास आनी जागतिकरणाच्या बाबतीत राज्य देशाच्या बरोबरीन वाटचाल करता ही आमच्या सगळ्या खातीर अभिमानाची गजाल जावन आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज कांपाल परेड मैदानाचेर आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात उलयताना सांगले.

गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. राजेश पाटणेकर, म्हायती तंत्रज्ञानमंत्री श्रीमती जेनिफर मोन्सेरात, विरोधी पक्ष फुडारी श्री. दिगंबर कामत, आमदार श्री. सुदीन ढवळीकर, पणजीचे महापौर श्री. उदय मडयकार, एडव्होकेट जनरल श्री. देवीदास पांगम, मुखेल सचिव श्री. परिमल राय, सरकारी सचिव, खात्यांचे मुखेली, वरिश्ट सरकारी अधिकारी आनी सुरक्षां दळांचे अधिकारी सुवाळ्याक हाजीर आशिल्ले.

एनसीसी, नेहरू युवा केंद्र, भारत स्काऊट आनी गाईडस् ह्यो संस्थां युवकांक योग्य मार्गदर्शन कपाचे काम करता. स्वामी विवेकानंद, सुभाषचंद्र बोस ह्या सारखे म्हान फुडारी युवकांचे प्रेरणास्थान आसा. युवकांनी तांचे विचार आनी तत्वां आत्मसात करपाक जाय. कांय विघातक शक्ती देशांतल्या युवकांची आनी शेतकारांची दिशाभूल करतात, अशा विघातक शक्तींच्या प्रचाराक बळी पडनासतना युवकांनी देश आनी लोककल्याणाप्रती प्रेम दाखोवन भारताक विकसीत देश करपाक मदत करची, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले. तशेंच तांणी प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी नेताजी सुभाषचंद्र बोस हांचो जल्मदीस पराक्रम दीस म्हुण जाहिर करपाच्या निर्णयाक येवकार दिलो.

देशाच्या संविधानीक तत्वांचेर आमची सरकारी यंत्रणां काम करतात. पुण संविधानीक तत्वांक पाळो दिवप हे प्रत्येक नागरीकाचे कर्तव्य जावन आसा. संविधान आमकां आपले हक्क आनी जबाबदारींची जाणीव करून दिता. एक भारत, श्रेश्ठ भारताचो नारो सफल करपा खातीर आमी एकजूट राखपाक जाय. स्वच्छ भारत, स्किल इंडिया, मेक इन इंडिया, फिट इंडिया, सुरक्षीत भारत हे सगळे उपक्रम लोककल्याणाखातीर आसात. हे उपक्रम यशस्वी करपा खातीर आमी सगळ्यांनी प्रधानमंत्र्याक सहकार्य करूया, अशें आवाहन तांणी केले.

डॉ. सावंत हांणी कोवीड म्हामारीच्या काळात लोकांची सेवा करपाक म्हत्वाचे योगदान दिल्ल्या भलायकी कर्मचाऱ्यांचे आनी फ्रंटलायन योध्यांचेय अभिनंदन केले. तशेंच तांणी कोरोनाआड वासीन तयार करपी भारत बायोटॅक आनी सेरम इन्स्टिट्युटच्या प्रयत्नांचीय तोखणाय केली.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं रेंज फॉरेस्ट ऑफिसर निलेश डी. नाईक, राज्य शिक्षक पुरस्कार जैतवंत अविनाश पारखे, , अमिता उर्फ शमा एस. एन. देसाय, गोपाळ धर्मा सावंत, नंदा विठ्ठल माजीक, श्रीकृष्ण गजानन वजे, मोनिका कुयेल्हो, मारिया मुरेना मिरांडा, विठोबा उध्दव बगळी, राजीव के. देसाय तशेंच सामाजीक क्षेत्रातल्या योगदानाखातीर कायतानो जे. फर्नांडिस आनी सिप्ला फार्मास्युटीकलचोय भोवमान केलो.

सुरवातीक मुख्यमंत्र्यान राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दिली आनी संचलनाची पळोवणी केली.

सुभेदार एस पी चौरासिया हांणी आर्मी बॅण्ड पंगडाचे नेतृत्व केले. कॉ. सिध्दार्थ राणा हांणी संचलनाचे नेतृत्व केले.

श्रीमती चारूशीला देसाय हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/116

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji